# देखावो सर्तीचो निकाल जाहीर

पणजी, २५ सप्टेंबर, २०१८

आश्विन ३, १९४०

गोंय सरकारच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयान चवथी निमतान ह्या वर्सा सार्वजनीक गणेश उत्सव मंडळां खातीर राज्य पातळीचेर घेतिल्ल्या देखावो सर्तीचो निकाल जाहीर केला.

सर्तीचो निकाल सकयल दिल्ल्या प्रमाण आसा-

पयलें इनाम- रु. २५,०००/- ब्रह्मेश्वर युवक संघ, आखाडा सांतइस्तेव, तिसवाडी

दुसरें इनाम- रु. २०,०००/- श्री महागणपती संस्थान, गणेश हील महालवाडा, मडकय

तिसरें इनाम- रु. १५,०००/- श्री राम मंदिर देवस्थान, रामभुवन वाडा, कुंभारजुवा

उमेद वाडोवपी इनामां – दरेकी रु. ७,०००/-

पयलें- कुंकळीकर बाल कला मंडळ, होंसो वाडा, मडकय, दुसरें- पेडणे पुलीस स्टेशन, पेडणे, तिसरें- कला अविश्कार गणेशोत्सव मंडळ, बांदोडा, फोंडा, चवथें- सरस्वती उत्सव मंडळ, गोलवाडा, कुंभारजुवा, पांचवें- कला युवक संघ (जुवेचा राजा), सांतइस्तेव, तिसवाडी.

राज्य पातळीवेल्या देखावो सर्तीचें परिक्षक म्हूण श्री. सचीन नाईक, श्री. सिद्धार्थ गोसावी आनी श्री. दीपक चारी आशिल्ले. सर्तींतल्या जैतिवंतांक इनामां आनी प्रमाणपत्रां कला आनी संस्कृती संचालनालय विशेश कार्यावळींत दितले. इनामां वांटपाच्या सुवाळ्याची तारीख उपरांत कळयतले.

मा/वाप/टीएसएस/विगां/न्रेस/फ्रारि/२०१८/१५७६